गोंय लोक सेवा आयोग
ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1 लो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी - गोंय, 403001.
संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in
जायरात क्रमांक **6** वर्स 2018

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख **22.06.2018** आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांनी"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. गुंगीशास्त्रांत सहाय्यक व्याख्यातो (अति दक्षताय विभाग) (Assistant Lecturer in Anaesthesiology)(ICU) .... 1 पद (हेर मागास वर्गींयां खातीर राखीव) (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+5400/- (पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिरायः** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी खातीर नोंद. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## II. शिक्षण संचालनालय

2. **सहाय्यक शिक्षण संचालक ( Assistant Director of Education)……… 1 पद [शारिरीक अपंगुळाक राखीव (अस्थीरोग अपंगूळ- खंयचोय एक पांय/एक हात)] (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** रू.  15,600-39,100 +7,600/- (पूर्व – सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 12 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय** :-

**आवश्यक**: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीची मास्टर्स पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्य विद्यापिठांत शिकोवप / शिक्षणाची पदवी वा तत्सम. (iii) खंयचेय शाळेंत / उच्च माध्यमीक शाळेंत वा शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेंत जापसालदार प्रशासकी क्षमतेच्या कामाचो उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसपावीत आशिल्लो 10 वर्सांचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:- (i) मराठीचें गिन्यान. (ii) उच्च माध्यमीक शाळेच्या प्राचार्य पदाचो अणभव.